मांड सोभाण वतीन मंगळूरू पयल्या संवसारीक कोंकणी संगीत महासंमेलनाचे आयोजन

ता. 2 नोव्हेंबर 2026

कोंकणी संगीताचो समृद्ध वारसो मनोवपा खातीर आनी ताचो सांस्कृतीक वारसो सांबाळपाच्या प्रयत्नांक प्रोत्साहन दिवपा खातीर 'मांड सोभाण वतीन कर्नाटकातल्या मंगळूरू हांगा पयल्या संवसारीक कोंकणी संगीत महासंमेलनाचे 3 नोव्हेंबर 2026 सावन आयोजन केला. हे संमेलन संवसारभरांतल्या विवीध वाठारांतल्या कोंकणी संगीतप्रेमी आनी कलाकारांक एकाच माचयेर एकटाय हाडटले.

उक्तावणाच्या सुवाळ्याक गोंयचे मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, कर्नाटक सरकारचे कन्नड आनी संस्कृती मंत्री श्री शिवराज तंगडगी आनी दक्षीण कन्नडचे खासदार कॅप्टन ब्रिजेश चौटा उपस्थित रावतले. ह्या कार्यक्रमाक मंगळूरू धर्मप्रांताचे बिशप रेव्ह. डॉ. पीटर पॉल साल्दान्हा, कळंगुटचे आमदार श्री मायकल लोबो, शिवोलीच्यो आमदार श्रीमती डिलायला लोबो, श्रीमती सुलक्षणा सावंत, येवकार समितीचे अध्यक्ष डॉ. रोनाल्ड कुलासो आनी मांड सोभाणचे अध्यक्ष श्री लुईस जे. पिंटो आनी हेर मानेस्त लेगीत उपस्थित रावतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/684

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.